**ऑप्शन्स ट्रेडिंग खातीर अतिरिक्त जोखीम प्रगटीकरण**

**ऑप्शन धारकांची जोखीम:**
1. ऑप्शन धारक थोड्याश्याच कालावधी भितर ऑप्शन खातीर फारीक केल्ली पुराय रक्कम वगडावपाची जोखीम आसता. ह्या जोखीमीत ऑप्शनाची मुजत सोंपल्या उपरांत ती एक पयशाची उधळपट्टी थारता. जो ऑप्शन धारक ताची मुजत सोंपच्या आदीं ताचो ऑप्शन दुय्यम बाजारांत विकीना वा ताचो वापर करिना तो त्या ऑप्शनांत गुंतयल्ली पुराय रक्कम वगडायता. ऑप्शनाची मुजत सोंपच्या पयलीं ताच्या मुळाव्या रकमेंत योग्य दिशेन, ऑप्शन घेतवपा खातीर दिल्ल्या राशीक जुळोवंन उरपा इतल्या प्रमाणांत बदल जालो ना जाल्यार, गुंतवणूकदार ऑप्शनात ताणें गुंतयल्ली सगळी रक्कम वा ताचो कांय वांटो वगडावंक शकता.

2. विशिश्ट परिस्थितींत कांय वेळा एक्सचेंज घडये वापराचेर मर्यादा घालूंक शकता आनी ताचे कडेन ऑप्शनाच्या वापराचेर मर्यादा हाडपाचो निव्वळ अधिकार आसता.

**ऑप्शन लेखकांची जोखीम:**
1. जर दरवाड अदमास लायिल्ल्या दिकेन फुडें गेलीना जाल्यार, ऑप्शन लेखक भरिल्ली रक्कम वगडावपाची जोखीम उप्रासता.

2. त्याच कळंतराचेर हेर ऑप्शन्स खरेदी करून आनी अशे तरेन स्प्रेड पोझिशन गृहीत धरून वा ऑप्शन बाजार वा हेर बाजारांत हेर प्रकारची प्रतिबंधीत सुवात संपादन करून ऑप्शन लेखकाची जोखीम घडये उणी करूंक शकतात. पूण, लेखकान जरी स्प्रेड वा हेर प्रतिबंधीत सुवातीचो अंदाज बांधलो तरीय, जोखीम ही आसताच. स्प्रेड पोझिशनात 'लांब' वा 'कमी' पोझिशना परस उणी जोखीम आसतलीच अशें आसना.

3. साबार ऑप्शन एकठांय विकते घेवप आनी लिखाण करप हाचो समावेश आसपी वा खरेदी वा विक्रीच्या एकठांवणे सयत ऑप्शनांची खरेदी वा लिखाण आसपी उलाढाली, तातूंतलें कळंतर उणें करतात, गुंतवणूकदारांक अतिरिक्त जोखीमी उपस्थित करतात. एकठांय उलाढाली, जश्यो ऑप्शन स्प्रेड्स, एकसुरी ऑप्शन खरेदी करप वा लिखाणा परस चड कठीण आसता. आनी हाचेंय कडेन लक्ष आसूंक जाय कीं, गुंतवणूकीच्या हेर खंयच्याय वाठारांत आसता त्या प्रमाणेंच, खंयची जटीलताय आसा हाचे बद्दल पुराय समज आसप ना, होय एक जोखीम घटक आसा. हाचो अर्थ एकत्रीत मांडण्यो विचारांत घेवप ना असो न्हय तर, तुमकां ऑप्शनांतल्या सगळया गुंतवणूकीं खातीर, बाजाराच्या वेगवेगळया परिस्थितींत एकठांय उलाढालीनीं येवपी जोखीमी आनी संभाव्य फायदो हाचो अणभव आनी गिन्यान आसपी खंयच्याय व्यक्तीकडल्यान सल्लो घेवपाचो सल्लो दिता.